Date: 09/08/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM

उपराष्ट्रपती

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हाणी आयज अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांची राजधानी श्री विजयपुर्मात "हर घर तिरंगा" मोहिमेखाला राष्ट्रीय तीरंगो हुबवून सुटके झुजाऱ्यांक आर्गां ओपली. १९४३ वर्सा पोर्ट ब्लेअरांत नेताजी सुभाष चंद्र बोस हाणी तिरंगो हुबयलो ह्या इतिहासीक घडणुकेचोय उगडास ताणी केलो. राश्ट्रीय उदरगत आनी पर्यावरण संरक्षणामदीं समतोल दवरपाची गरजेचेर तांणी भर दिलो. उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारत छोड़ो आंदोलनात वांटो घेतील्ल्या सगल्यांक आर्गां ओपली. चें धैर्य दरेका भारतीया खातीर सदांच प्रेरणादायी आसा अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत ताणी सांगलें.

घरमंत्री

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज पुडुचेरींत "हर घर तिरंगा यात्रेक पाचवो बावटो दाखयलो. मुरुगा थिएटराकडल्यान सुरू जाल्ल्या ह्या यात्रेकत हजारांनी लोकांनी वांटो घेतिल्लो.ताचे पयली ताणी गोरिमेडूत पुडुचेरी पुलिसांक राष्ट्रपतीचो पुलीस ध्वज भेटयलो. पुलीस दळाक परबीं दितना ताणी सांगले सेंक .

तशेच तंत्रज्ञान समयोचितताय आनी विस्वास ह्या तीन म्हत्वाच्या खांब्यांचेर नवे गुन्यांवकारी कायदे आदारिल्ले आसात अशें घरमंत्रांनी हयावेलार सांगले .

हर घर तिरंगा'

'हर घर तिरंगा' मोहीम आयज सावन सुरू जाता आनी ती ह्या म्हयन्याच्या 17 तारखे मेरेन चलतली. नागरिकांमदीं देशभक्ती वाडोवप, राश्ट्रीय एकचार घटमूट करप, भारताचें सांस्कृतीक दायज दाखोवप हो ह्या मोहिमेचो हेत आसा. वंदे मातरम ह्या राश्ट्रीय गीताक अंदु देड्शे 150 वर्सां पुराय जाल्ल्यान ह्या मोहिमेक खाशेलें म्हत्व आसा. हे मोहिमेक लागून देशभरांत वंदे मातरमचे सामूहिक गायन आनी तिरंगा यात्रां घडोवन हाडटात.

## संरक्षण मंत्री

भारत आपल्या नागरिकांची राखण करपा खातीरच जायते यत्न करता असो संदेश ऑपरेशन सिंदूरान संवसाराक दिला अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान सांगलें. नवी दिल्लीच्या बेस हॉस्पिटलांत सिंदूर महारात्कदान यात्रा शिबिराचें उक्तावण करतना तांणी भारतीय संरक्षण दळाच्या शौर्याची तोखणाय केली. तरणाट्यांक नेमान रगतदान करपाचो उलो ताणी ह्यावेळार मारलो.

## शिक्षण मंत्री

केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रहलाद जोशी हांणी आयज राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी (एनटीए) संबंदीत विश्यांचेर  शिक्षण मंत्रालयाचे सचीव आनी वडील अधिकाऱ्यां वांगडा बसका घेतली. संस्थात्मक चौकटी घटमूट करप, प्रक्रिया सुव्यवस्थित करप, विद्यार्थ्यांविशी जापसालदारकी सुनिश्चीत करपा संबंदीत म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर भासभास जाली अशे सोशल मिडिया पोस्टांवरवी ताणी सांगलें .  दरेका विद्यार्थ्याची आकांक्षा पुराय करपी एक घटमूट, पारदर्शक आनी विस्वासपात्र परिक्षा पद्दत तयार करपाचेर सरकाराचें मुखेल लक्ष आसा अशें ताणी मुखार सांगलें.

## आदिवासी दीस

संवसारभर आयज संवसारीक जनजातीय दीस मनयतात. हो दीस आदिवासी लोकांचे हक्क, संस्कृताय, परंपरा, आनी योगदानाचो भोवमान करता. संयुक्त राश्ट्रांनी १९९४ वर्सा ताची सुरवात केली. "आदिवासी दाईंचो मान - जिवीत आनी काळजीचे जतन ," हो ह्या वर्साचो विशय आसा . . केंद्रीय राज्यमंत्री डॉ. पेम्मासानी चंद्रशेखर हाच्या उपस्थितीत आंध्र प्रदेशांतल्या गुंटूरांत संवसारीक आदिवासी दीस मनयलो .

## खेळ

अमेरिकेंत जाल्ले संवसारीक एथलेटिक्स अंडर-20 सर्तींत भारतान तीन पदकां मेळयलीं. उंच उडींत बसंत कुमार मेघवाल हांणी रुप्या पदक आनी लांब उडींत शाहनवाज खान हाणे कांस्य पदक जिखलें.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड आनी छत्तीसगडांत घोग्यांनी पावसा खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. तशेंच फुडले काय दिस राज्यान हलको ते मध्यम पावस पडतलो असो अदमास खात्यान उक्तायला.

-------